देवश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो 01.11.2025 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज छत्तीसगडाक भेट दितले आनी राज्याच्या स्थापनेच्या पंचविसाव्या वर्साच्या उत्सवांत वांटो घेतले.
- काल गोयात फिडे बुद्धीबळ वस्तादपण सर्तिचे उक्तावण जाले
- आयज मलेशियाच्या कुआलालंपूरांत जावपी बाराव्या आसियान संरक्षण मंत्र्यांच्या ADMM-प्लस बसकेंत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग वांटो घेतले
- बॅडमिंटनांत काल  हायलो ओपन सुपर 500 सर्तीच्या बायलांच्या एकोडी  सर्तींत भारताची उन्नती हुडान धडक मारली.

मोदी 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज छत्तीसगडाक भेट दितले आनी राज्याच्या स्थापनेच्या पंचविसाव्या वर्साच्या उत्सवांत वांटो घेतले. मोदी आपल्या भेटी वेळार चवदा हझार दोनशेसाठ  कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांची माळ सुरू करतले आनी जायत्या कार्यावळींनी वांटो घेतले. 'दिल की बात' उपक्रमाचो  एक भाग म्हूण श्री सत्य साई संजीवनी हॉस्पिटल, अटल नगर, नवा रायपूर हांगा 'जीवन दान' कार्यावळी खाला जन्म/जात काळजाच्या दुयेंसांचेर येसस्वी उपचार घेतिल्ल्या सुमार अडेजहझार  भुरग्यां कडेन संवाद सादून प्रधानमंत्री आपली भेट सुरू करतले. उपरांत नवा रायपूर अटल नगरांतल्या छत्तीसगढ विधानसभेचे नवे इमारतींत भारत रत्न आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयीच्या  पुतळ्याचे अनावरण करतले. उपरांत प्रधानमंत्री मोदी छत्तीसगढ स्थापनेच्या रुप्या महोत्सवांत वांटो घेतले.  थंय रस्ते, उद्देग, भलायकी आनी उर्जा ह्या सारक्या मुखेल क्षेत्रांतल्या चवदा हझार दोनशेसाठ  कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत आनी परिवर्तनकारी प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घालतले.

naxal 100

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  नागरिकांक एकजूट जावन विकसित भारताचे सपन साकार करपाक राष्ट्राच्या प्रगतीखातीर स्वतःक  समर्पित करपाचे आवाहन केले. सरदार वल्लभभाई पटेलांच्या देडशाव्या जयंतीनिमित्त एकता नगर हांगा राष्ट्रीय एकता दिन सुवाळ्यानिमित्त आयोजित विशाल सभेत उलयताना ताणी म्हणले की, २०१४ पासून सरकारान नक्षलवाद आणि माओवादी दहशतवादाक निर्णायक आणि शक्तिशाली धपको दिला.  २०१४ आदी देशभरात सुमार शंभर जिल्हे माओवादी कारवायांनी प्रभावित आशिल्ले पुण आज ही संख्या फक्त अकरा मेरेन कमी जाल्या.  **Byte naxal**

तांणी कोट्यवधी लोकांनी घेतिल्या एकतेच्या सोपुतात देशव्यापी सहभाग अधोरेखित केलो आणि राष्ट्रीय एकता मजबूत करपाच्या सामूहिक संकल्पाची पुष्टी केली. प्रत्येक नागरिकान राष्ट्राच्या रचनेक कमकुवत करपी खंयच्याच विचारांक वा कृतीक न्हयकारचे हाचेर त्यांनी भर दिला आणि ती काळाची गरज अशील्ल्याचे सांगले.  **Byte shapath**

फिडे 200

फिडे बुद्धीबळ वस्तादपण सर्त २३ वर्षांनी भारतात परत जाल्या. या प्रतिष्ठित स्पर्धेचे काल गोयात ताळगाव हांगा डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी INDOOR स्टेडियमात उक्तावण जाले. ३१ ऑक्टोबर ते २७ नोव्हेंबर मजगती जावपी या विश्वचषकात ब्यायशी  देशांतले २०६ खेळगडे एकूण दोन दशलक्ष डॉलर्सच्या बक्षिसा खातीर स्पर्धा करतात. गुकेश डी, प्रज्ञानंद आर, वेस्ली सो आणि अनिश गिरी यांसारखे दिग्गज खेळाडू भाग घेतात, जाका लागुन गोय मुखावेल्या चार सप्तका खातीर बुद्धिबळाची जागतिक राजधानी जाला. बुद्धिबळ विश्वचषक भारतात परतला , जंय चतुरंग खेळाचो जन्म झाला, अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदि हाणी म्हणले. ताणी गोयचे वर्णन एक योग्य सुवात म्हणून केले ज्याचे शांत आकर्षण बुद्धिबळाच्या शांत तीव्रतेचे प्रतिबिंब आसा अशे या कार्यक्रमात  आपल्या संदेशात प्रधान मंत्री

नरेंद्र मोदी हणी म्हणाले. ही स्पर्धा प्रमुख आंतरराष्ट्रीय  खेळा स्पर्धांचे यजमान म्हणून  भारताची वाढती भूमिका अधोरेखित करता आणि आशा व्यक्त करता की हाका लागुन तरणाट्यांक हो खेळ स्वीकारणपाक प्रेरणा मेळटली अशे ताणी म्हळे

केंद्रीय खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया यांनी भारताचे जागतिक बुद्धिबळ शक्तीत रूपांतर झाल्याचे कौतुक केले. २००२ त निमण्या वेळार या स्पर्धेचे आयोजन केल्यापासून देशान ग्रँडमास्टर्सची संख्या १० वेल्यान अठ्याय्शी मेरेन वाढल्या अशे नमूद केले.

ही स्पर्धा गोयचे एक चैतन्यशील खेळा केंद्र म्हणून उदेले आणि भारताखातीर अभिमानास्पद क्षण म्हण प्रतिबिंबित करता अशे गोयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणाले

राजनाथ 80

आयज मलेशियाच्या कुआलालंपूरांत जावपी बाराव्या आसियान संरक्षण मंत्र्यांच्या ADMM-प्लस बसकेंत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग वांटो घेतले. 'ADMM-प्लस च्या 15 वर्षांचे प्रतिबिंब आनी फुडें वचपाचो मार्ग आखप' ह्या विश्याचेर ते उलयतले. ADMM-ही संघटना असोसिएशन ऑफ साउथईस्ट आशियाई नेशन्स (आसियान) हे संस्थेखाला सगळ्यांत उंचेली संरक्षण सल्लागार आनी सहकारी संस्था म्हूण काम करता. काल दुसरे आसियान-भारताचे अनौपचारीक संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेंत संरक्षण मंत्र्यानी  वांटो घेतिल्लो. ह्या वेळार उलयतना सिंग हाणी आयच्या अनिश्चीत संवसारांत, जंय जायते पोण्र्यो श्रद्धा आनी अपेक्षा बदलत आसात, थंय "आसियान-भारत संबंद", स्थिरतायेचो एक घटमूट खांब अशें म्हणले.

द्विवेदी 75

पारंपारीक सर्त, आतंकवाद आनी प्रॉक्सी झुजां तशेंच चुकीच्या माहितीच्यो मोहिम ह्यो आयज व्हड धोको निर्माण करतात अशें लश्कर मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी म्हणलां. झुज वाढत्या प्रमाणात गतीशील आनी संपर्क/विरयत जावपाक लागलां अशे नवी दिल्लींत राश्ट्रीय सुरक्षे खातीर तरणाट्यांक सशक्त करपाक आयोजीत केल्ल्या कार्याव्लीत उलयताना ताणी म्हणले. बहुक्षेत्रीय आव्हानांच्या ह्या काळांत राश्ट्रीय सुरक्षा आनी राष्ट्रनिर्माण अवि/भाज्य आसा हाचेर तांणी भर दिलो. संवसारीक पावडयार जोडिल्लो आनी सामाजिक/दृष्ट्या जागृत आशिल्लो जेन झी ह्या नवीन झुज क्षेत्राच्या मुळाक आसा अशें तांणी म्हणले

वेदर 70

भारतिय हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय आनी बिहारात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच गुजरात, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात्य घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान गंगेटिक अस्तंत बंगाल आनी ओडिशात वीज आनी वादळी वारें येतले असो अदमास काडला. मजगतीं, आयज उत्तर कोंकण दर्यादेग, उदेंत मध्य, ईशान्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी आनी अंदमान दर्याचेर वादळी हवामानाची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

बॅडमिंटन 65

बॅडमिंटनांत काल जर्मनींत जाल्ल्या हायलो ओपन सुपर 500 सर्तीच्या बायलांच्या एकोडी सर्तींत भारताची उन्नती हुडान धडक मारली. क्वार्टर फायनलींत उन्नतीन

चीनी ताइपेच्या चवथ्या क्रमांकाच्या लिन झीआंगाक  22-20, 21-13 अशा सेटांनी हारयले . आतां तिका फायनलींत सुवात मेळोवपा खातीर इंडोनेशियाची पयल्या क्रमांकाची कुसुमा वर्दानी हांचे आड खेळचे पडतले. दादल्यांच्या एकोडी  सर्तींत भारताचें आव्हान लक्ष सेन, आयुष शेट्टी आनी किरण जॉर्ज हे  आपआपले क्वार्टर फायनलींत हारले उप्रांत सोंपलें

**आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो**

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज छत्तीसगडाक भेट दितले आनी राज्याच्या स्थापनेच्या पंचविसाव्या वर्साच्या उत्सवांत वांटो घेतले.
- काल गोयात फिडे बुद्धीबळ वस्तादपण सर्तिचे उक्तावण जाले
- आयज मलेशियाच्या कुआलालंपूरांत जावपी बाराव्या आसियान संरक्षण मंत्र्यांच्या ADMM-प्लस बसकेंत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग वांटो घेतले
- बॅडमिंटनांत काल  हायलो ओपन सुपर 500 सर्तीच्या बायलांच्या एकोडी  सर्तींत भारताची उन्नती हुडान धडक मारली.